**आर्मां, तुबकां पुलीस स्टेशनार जमा करपाचो आदेश**

ता. 7 एप्रिल 2021

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान दक्षीण गोंयांतल्या मुरगांव, मडगांव, केपे आनी सांगे नगरपालिकेची वेंचणूक 23 एप्रिल 2021 दिसा घेवपाचे जाहिर करून 30 मार्च 2021 सावन वेंचणूक आचारसंहिता लागू केल्ली आसा.

वयल्या नगरपालिकांची वेंचणूक मुक्त आनी शांततायेच्या वातावरणात घेवपाखातीर दक्षीण गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान दक्षीण गोंयच्या खंयच्याय भौशीक थळार, रस्त्यार, पायणीत, गल्लीत, चौकात वा खंयच्याय उकत्या जाग्यार कसल्याय तरेची तुबकां, आर्मां आनी शस्त्रां व्हरपाक, लागी बाळगुपाक तत्काळ बंदी लागू केल्या.

तशेंच दक्षीण गोंयातल्या परवानाधारक शस्त्र मालकांक आपली तुबकां, आर्मां ता. 7 ते 12 एप्रिल 2021 मेरेन आपल्या लागीच्या संबंदीत पुलीस स्टेशनाचेर जमा करपाचो आदेश दिला. जमा केल्ली शस्त्रां वेंचणूक मतमेजणींच्या पाच दिसां उपरांत म्हणजे वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण जालें उपरांत परत करतले.

खंयच्याय व्यक्तिक वा त्या व्यक्तिच्या मालमत्तेच्या सुरक्षेक धोको आसल्यार पुलीस सुरक्षा दिवपा खातीर तशें पुलीस महासंचालकाक कळोवचे, पुण जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्याची खास परवानगी वा सूट आसले बगर खंयच्याय व्यक्तिक आर्मां आपल्यालागी बाळगुपाक मेळची ना.

हो निर्बंध कामावयले लोकसेवक, पुलीस, संरक्षण अधिकारी आनी सुरक्षा अधिकारी, भारतीय राष्ट्रीय रायफल संघटनेचे वांगडी आशिल्ले खेळगडें, बँकांचे जबाबदार कर्मचारी आनी दीर्घकाळ कायदो, रूढी, रीतीरिवाजाप्रमाण शस्त्रां प्रदर्शीत करपाची मान्यताय आशिल्ल्या समाजाच्या वांगड्यांक लागू ना, पुण तांचो हिंसा वा कायदो आनी सुवेवस्थेक धोको निर्माण करपाच्या घडणूकांनी आसपाव आसपाक जायना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/382

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji